1st May 2025 सकाळी -7.25

आकाशवाणी पणजी

व्हेव्ज -

आयज मुंबयच्या जियो वर्ल्ड कन्व्हेंशन सेंटरांत, वेव्हज म्हळ्यार संवसारीक ऑडिओ व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर परिषद जाता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या शिखर परिषदेचें उक्तावण करतले. वेव्स शिखर परिषदेचो हेत, भारताक संवसारीक मनरिजवण अर्थवेवस्थेंत, वर्स 2029 मेरेन 50 अब्ज डॉलराची बाजारपेठ उक्ती करपाचो आसा. 4 दिसांच्या ह्या कार्यावळींतल्यान, जागतीक माध्यम संवाद, खरेदीदार-विक्रेतो मेळप, उदयाक येवपी निर्मात्यां खातीर सत्रां आसतली.

जातीय जनगणना -

केंद्र सरकारान फुडली जनगणना, जातीनिहाय करपाचो निर्णय घेतला. जातीय जनगणना केंद्रिय मंत्रिमंडळात मान्यताय दिल्या निर्णयाचे, गोंय भाजपावतीन प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नाईक हांणी स्वागत केला. जातीय जनगणनेक, कॉंग्रेसीन केन्नाच तेको दिंवक ना. हाचो भारताच्य भौसंख्य नागरीकांक फायदो जातलो. कॉग्रीसीन मात, ह्या विशयाचेंर राजकारण केले, असोय आरोप दामोदर नायक हांणी पणजे भाजप मुख्यालयात घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार केला.

कामगार दीस -

कामगार आनी रोजगार आयुक्त कार्यालयान, दिशा फांवडेशन हांच्या जोड पालवान, आयज सकाळी 10.00 वराचेर, मॉडेल कॅरियर सेंटर ट्रेनिंग हॉल, कामगार आनी रोजगार आयुक्त कार्यालय, श्रमशक्ती भवन, पाटो पणजी हांगा

कामगार दीस कार्यावळीचें आयोजन केला. हे कार्यावळींत मुख्यमंत्र्याच्या हस्तुकीं असंघटीत क्षेत्रातले स्थलांतरीत, घरकाम, उद्देगीक आनी नगरपालिकांच्या 20 कामगारांचो श्रमगौरव पुरस्कार भेटोवन सन्मान करतले. कामगारांनी जागृताय कार्यक्रमाक हजर रावन, तांच्या कल्याणाखातीर राबोवपात येवपी येवजणांची म्हायती करून घेवची, अशें कामगार आनी रोजगार आयुक्त कार्यालयान मागला.

काजू महोत्सव -

17 ते 18 मे ह्या काळात, पणजे बांदोडकर मैदानाचेर cashew fest season-3 चे आयोजन केला. ह्यान पयली 25 ते 27 एप्रील ह्या काळात महोत्सवाचे आयोजन केल्ले. मात, पहलगाम  हल्ल्याच्या फांटभुयेर हो महोत्सव रद्द केल्लो. आता ह्या महोत्सवाच्यो नव्यो तारख्यो गोंय रान म्हामंडळान जाहीर केला. गोंयची काजुची पिकावळ 450 हॅक्टर इतकी आसा. साश्टी, तीसवाडी तशेच बार्देश म्हालांनी काजीची पिकावळ वाडोवपाची मोख दवरल्या, अशी म्हायती गोय रान म्हामंडळाची अध्यक्षा आनी पर्येची आमदार देवीया राणे हीणे दील्या.

समर्थ एक्स ई प्लॅटफॉर्मा -

गोंय राज्य उच्च शिक्षण मंडळान, राज्य शाळा शिक्षण वेवस्थेंत समर्थ एक्स ई-गोव्ह,  प्लॅटफॉर्माची अंमलबजावणी सुरू केल्या. हो बहुउद्देशी मुखेल डिजिटल उपक्रम २०२५-२६ शिक्षणीक वर्सा सावन सुरू जातलो. गोंय राज्य उच्च शिक्षण मंडळान,  गोंयांतल्या सगल्या म्हळयार वट्ट १ हजार ४८० शाळांक, समर्थ एक्स ई-गोव्ह पोर्टलाचेर, ऑनबोर्ड घेवपाची येवजण आंखल्या. डिजिटल एकीकरणाच्या प्रक्रियेतल्यान राज्यभरांतल्या शाळांनी,  प्रशासकीय आनी शिक्षणीक प्रक्रिया सोपी आनी सुलभ जावची, ही  मोख दवरून हे काम मुखार वतले, अशे गोवा राज्य समर्थ ई-गव्ह प्रकल्प संचालक डॉ. महादेव गांवस हांणी सांगला.

राज्यातल्या सरकारी आनी अनुदानित शाळा मुखेल्यानी आनी संगणक शिक्षकांनी, ५ ते ९ मे मेरेन जावपी प्रशिक्षण कार्यावळीत सहभागी जावंचे, अशे आवाहन उच्च शिक्षण संचालनालयान केला. ह्या प्रशिक्षण कार्यशाळांचें सविस्तर वेळापत्रक आनी सुवात सगळ्या शाळांक धाडून दिल्या, अशे ह्या विशीच्या खबरेत म्हळा.

घोटला कानो -

साडेपाच कोटी रुपयाचो कांदो घोटाळो केल्लेखातीर, गोंय राज्य मार्केटींग अण्ड सप्लाय फेडरेशनाचे व्यवस्थापकी संचालक काशिनाथ हांका निलंबित केला. 22 ओक्टोबर ते 11 नोव्हेंबर 2024 ह्या काळात, फेडरेशनावतीन सवलतीच्या मोलान, नॅशनल एग्रीकल्चर को- ओपरेटील्ह मार्केटींग फेडरेशन ऑफ इंडीया कडल्यान, 1 हजार 589 मेट्रीक टन कांदो 36 रुपया प्रतिकील ह्या मोलान विकत घेवन, तो गिऱ्हायकाक म्हारग मोलान विकील्लया खातीर, नायक हांचेर ही कारवाय जाल्या. आनीक एका कारवायेत, नगर नियोजन खात्याचे मुखेल नगरनियोजक राजेश नाईक हांका सेवेतल्यान निलंबित केला. राजेश नाईक हांचेर घोटाळ्याचे आरोप आशिल्ले. हे विंशी दक्षता खात्याकडल्यान चौकशी सुरु आशिल्ली. चौकशीदरम्यान राजेश नाईक हांका निलंबित करपाचो आदेश, काल कार्मिक खात्यान काडला.

कुंकळ्ळी सोबितीकरण -

कुंकळ्ळी मतदारसंघांतल्या उस्किणी-बांद ते बाळ्ळी मेरेनच्या सोबितीकरण प्रकल्पाचें काम, आमदार युरी आलेमांव हांचे हस्तुकीं बुधवारा सुरू जालें. लोकांची खूब आदीं सावन प्रलंबीत आशिल्ली मागणी आतां फळादीक जातली, अशें विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमांव हांणी सांगलें. 'ह्या प्रकल्पांत वॉकिंग ट्रॅक आनी लोकांक बसपाक बांक आसतले, जाका लागून सांजवेळा भोंवपाक आनी

विसव घेवपाक, योग्य सुवात मेळटली. हो प्रकल्प चलपाक आनी भलायकी बरी दवरपाक उपेगी थारतलो, अशें आलेमांव हांणी सांगलें.

आयपीएल -

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत, काल रातीं चेन्नयच्या एमए चिदंबरम स्टेडियमांत, पंजाब किंग्सान चेन्नई सुपर किंग्साक, 4 विकेटींनी हारयलो. मजगती, आयज राजस्थान रॉयल्स आनी मुंबय इंडियन्स मदी जयपूरच्या सवाई मानसिंह स्टेडियमाचेर सांजवेळा 07:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

हवामान 65

राज्यांत चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमान वाडिल्ल्यान, राज्यांतली गरमी वाडल्या. पणजेचें तापमान चडांत चड ३८.८ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २७ अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां. फुडल्या ३ तें ४ दिसांत राज्यांतलें हवामान सुकें उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबरा विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र, तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे 7 वरा जावन वीस मिनटांचेर. नमस्कार!